**उत्कृश्ट साधनसुविधांच्या विकासाखातीर बांदकाम क्षेत्रात नवीन बदल आनी तंत्रज्ञानाचो आस्पाव गरजेचो- श्री. शिरोडकर**

ता. 15 सप्टेंबर 2022

अभियंत्यांनी बांदकाम क्षेत्रात नवीन बदल आनी तंत्रज्ञान प्रक्रियेचो आस्पाव करून उत्कृश्ट साधनसुविधां निर्माण करपा खातीर योगदान दिवपाची गरज आसा , अशें उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी सांगलें.

उदकास्त्रोत मंत्री श्री. शिरोडकर आयज सिंचायी भवन , पर्वरी हांगा उदकास्त्रोत खात्यान आयोजीत अभियंता दीस कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले. देशातले पयले अभियंते भारतरत्न सर एम. विश्वेशवरय्या हांच्या जयंती दिसा अभियंता दीस मनयतात.

अभियंत्यांनी आपल्या वेवसायकडेन प्रामाणीक आना समर्पित रावन लोकांची सेवा करपाक जाय. देशात अभियांत्रीकी क्षेत्रांत साबार अशी आदर्श व्यक्तिमत्वां आसून तांच्या कार्यातल्यान प्रेरणा घेवन आमी आमची उद्दिश्टां पुर्ण करपाक जाय. मनशान आपल्या वेवसायिक जीणेत निपूण आसपाक जाय, तेन्नाच आपल्या वेवसायात यशस्वी जावपाक शकता, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार आयोजीत परिसंवादात आयआयटी, मुंबयचे डॉ. प्रसाद रागणेकर हांणी रोजगार निर्माण आनी तंत्रज्ञान विकासात अभियंत्यांची भुमीका ह्या विशयाचेर भाशण केले. लोकांक कमी गुंतवणूकीत दर्जेदार बांदकाम सेवा मेळपाखातीर अभियंत्यानी नवीन संशोधन आनी तंत्रज्ञानाचेर भर दिवपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

उदकास्त्रोत खात्याचे सचीव श्री. सुभाष चंद्रा हांणी अभियंत्यांक राज्यांतल्या लोकांची शिंपणावळ आनी पिवपाच्या उदकांची गरज पुर्ण करपा खातीर काम करपाचो उलो मारले.

उदकास्त्रोत खात्याचे मुख्य अभियंता श्री. प्रमोद बदामी हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. पर्यावरण शिक्षण केंद्राचे कार्यक्रम समन्वय डॉ. सुजीत कुमार ढोंगरे, गोंय जैव संपदा मंडळाचे वांगडी सचीव डॉ. प्रदीप सरमोकादम आनी अभियंता वर्ग कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/540

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,

Near Azad Maidan, Panaji